# राष्ट्रपती हस्तुकीं नौदळाक राष्ट्रपतींचो कलर भोवमान प्रदान

ता. 6 सप्टेंबर 2021

भारताचे राष्ट्रपती श्री राम नाथ कोविंद हांणी आयज आयएनएस हंसा, गोंय दाबोळी हांगा जाल्ल्या सुवाळ्यात भारतीय नौदळाक उत्कृश्ट सेवेखातीर राष्ट्रपतींचो कलर भोवमान प्रदान केलो.

राष्ट्रपतींचो कलर भोवमान हो लश्कर विभागाक भेटोवपात येवपी सर्वोच्च भोवमान आसा. भारतीय नौदळाक 27 मे 1951 त भारताचे पयले राष्ट्रपती डॉ. राजेंद्र प्रसाद हांणी असो भोवमान प्रदान केल्लो.

आयएनएस, हंसा, दाबोळी हांगा जाल्ल्या सुवाळ्याक गोंयचे राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई, मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत, केंद्रीय पर्यटन, बंदर जहाज आनी जलमार्ग राज्यमंत्री; श्री श्रीपाद येसो नाईक, शिश्टाचारमंत्री श्री माविन गुदिन्हो, नौदळाचे एडमिरल करमबीर सिंग, व्हाइस एडमिरल आर हरी कुमार, मुख्य सचीव श्री परिमल राय आनी हेर नागरी आनी लष्कर सेवा अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार भारतीय नौदळाच्या जवानांनी संचलन करून राष्ट्रपतींक गार्ड ऑफ ऑनर प्रदान केले. तशेंच 21 तोफांची शस्त्र सलामी दिली

राष्ट्रपती श्री. राम नाथ कोविंद हांणी आपल्या भाशणात देशसेवेखातीर भारतीय नौदळान केल्ल्या गौरवशाली योगदानाचो उगडास करून भारतीय नौदळान इंडो-पॅसिफिक मित्र देशांमदी राजनितिक संबंध वाडोवपाक म्हत्त्वपूर्ण प्रयत्न केल्ले आसात, अशें म्हणलें.

तशेंच नौदळान वेगवेगळ्या प्रसंगार शांतीकाय राखपाक, मानव हिताखातीर मदत आनी आपत्ती निवारण कार्यातय देशात आनी विदेशातय म्हत्वाचे काम केला, अशेंय राष्ट्रपतीन म्हणलें.

राष्ट्रपती श्री. कोविंद हांणी नौदळान 'आत्मा निर्भर भारत' मोहिमेक योगदान दिवपाखातीर सुरू केल्ल्या प्रयत्नांचीय तोखणाय केली. तांणी मेक इन इंडिया चळवळीच्या बाबतीत भारतीय नौदळान केल्ल्या प्रगतीचीय तोखणाय केली.

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/755

.

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji